# अणभवा - मातयेंत किल्लून चिसंना - पाणयांत रुजून आयिल्ली कोंकणी कवितेची कृणवालः परेश नरेन्द्र कामतीचो 'अळंग'सावन 'गर्भखोल'मेरेन चित्तवेधक काव्य-प्रवास

**डॉ. किरण बुडकुले**

परेश नरेन्द्र कामत. नीज अणभवा कडल्यान परमोच्च जाणिवे मेरेन वचूंक आंवडेवपी सुहृद कवी. संवेदनेन थपथपिल्लें कवीमन; सर्जनाचो थाव घेवंक आशेल्ली प्रतिभा; जिविताच्या सोदाक ओंपिल्ली कविता. तरीकूय दिसपट्टे जिणेचेर भाश्य करपाक खांकुडपी, 'अळंग' प्रवृत्तीचो निरागस 'भुरगो' प्रतिभावंत. पूण तागेली कविता मात वयावेली मुग्धा. उमाळ्यान, जिवसाणेन रसरशिल्ली नवोढा. खूब कितें सांगपाची उमळशीक. पूण आत्म-मग्न भासपी. मिताक्षरी तशीच मितभाषी. प्रतिमेचे नदरेन उलोवपी. मेजकींच चित्रमय उतरां. पंचेंद्रियांक भावपी कवनां; मनेंद्रियाक भिडपी आशय. सुपूर पूण सखोल अशी ही मनकवडी, वादळ-पिशी कविता. फाऽटीं अळंग (२०००) वाचिल्ली आनी मनाच्या कोनशाक धांपून दवरिल्ली चेराची शिशी कशी... बाळगून...! काय तीच मज घेवन राविल्ली मनांत लिपून? *'अर्भकाच्या दोळ्यांनी कोण तेळटा/आवयच्या कुसव्यावरी हो संवसार फुलोवन'?* (अर्भकाच्या दोळ्यांनी, पा. २४) अशे घुस्पटीचे प्रस्न विचारीत? सांगूं नजो. पूण पयर अचकीत तिगेली याद परतून एक फावट जिवी तट्टटीत जाली.



जालें अशें... परेशालो गर्भखोल (२००४) हो नवोताल्ल संग्रह आयलो. उडवाडाकय आनी म्हजे कडेनय. माधवी कडल्यान. वांगडा एक व्यक्त-अव्यक्त अपेक्षा. तांची तशीच म्हजीय : जमल्यार एक परिक्षण बरोवचें. शक्य जाल्यार बेगीन - अशें म्हजे म्हाकाच दिसलें. नाजाल्यार परिक्षण तश्शें उरता. पुस्तक पोरणें जाता. पूण प्रयत्न करूनय परिक्षण घडना. देखून, गर्भखोल रोखडीच वाचली. रुचली आनी मनांत रुजलीयबी. म्हूण परतून वाचली. भावली तरीकूय नेमकें 'बोट' दवरून पारखूंक आयली ना. मात म्हाका भायर-भितर अस्वस्थ करीत रावली. मना-आंगणांत एक्कसारकी दपत-दडत रावली... आदले वरीच प्रस्नांची लांबलचक वळेरी घेवन ('चित्र', पा. १७). मात आतां ते प्रस्न घुस्पायनासले; दांगडा जापेच्यो नदरेपेल्यो कुरवो वावडीत 'आपणाल्या संश्लिष्ट आशयाच्यो ताणयो ल्हवपीक हातान जाता जाल्यार सोडय आनी त्या भौरंगी धाग्यांनी जमता जाल्यार तांतुंतल्या गूढ-रूमानी प्रतिमांचें अर्थावण कर' अशी जणुंकाय म्हाका चॅलेंज दीत रावताले.

हांवेंय कांय नदरेंत भरसारकीं प्रतिकां वेंचलीं; कांय वळखीच्या प्रतिमांचे आराखडे बांदले; कांय ढोबळ निरीक्षणांचे कार्बन पेपर घेवन चालंत निश्कर्शांचे नमुने आंखले. पूण उतरांच्यां पोंतांनी मनाजोग्या अर्थावणाची नक्षी उदेलीच ना; उदेली ती नेमस्त पगां मेजिल्ली गंवांची शिवण. चित्रमय. रंगयाळीं मोस्त्रां...! पूण कवितेंतल्या अमूर्ताच्या लसलशीत संभावनांक जागोवंक अपेशी. नियाळ सर्वांगी आसूनय ताका शाश्वताचो घमघम आयलोच ना; उदक-वारें-मळब-माती कालोवन तांतूंत तेज केळोवपी कवीचे हरवे, दिखाळ प्रतिभेचो पंचलवी आविश्कार तांतूंत निस्तलोच ना. आनी म्हूण, म्हाकाच दिसलें : म्हज्या निरिक्षणाचे कवेंत **गर्भखोल**चें नीजपण आयलेंच ना; ताचो दळ उतरांच्या पांखांनी उडून गेलो; आनी बोटांतल्यान व्हळून वचपी रेंवे परी ताचो कस निसटून गेलो. परेशानच अळंगांत म्हणिल्ले प्रमाण *'...ओंठार काळजांत घुस्मटिल्ली,/मुंगरिल्ली, एकाद्रे कवितेची जीवघेणी धग'* ('धग', पा. - ४४) जर परिक्षणाच्या होलमांत येना जाल्यार तें बरोवन कितें आनी कोणाचो लाव, अशें मनांत आयलें.

तेन्नाच चिंतलें : गर्भखोल एकटोशीं नियाळपांत 'अर्थ' ना; ताका **अळंग**चो सार्थ सांगात जाय. कारण त्या झेल्यांतच कवीन *'...पाकळे-पाकळेन/वल्होवचें फूल/ अशाश्वताच्या देंठांवयलें...'* अशी इत्सा आनी *'केंसर कशें उजवाडाचें एक शिट्क कीर्ण/हाडटलें म्हज्या दोळ्यांक सुप्त जाग...'* ('माग', पा. १३) अशी आस्त प्रगटावन आपणाले कवितेची रुमानी झांक आनी स्वछंदी सूर हांचो सोमतोच थाव घेतिल्लो. *'नव्यान जगपाक शिकतना / जावंदी जिणेचें सुर्यफूल'* म्हणपी कवीचे प्रतिभेचें सूर्यफूल जरी **गर्भखोल** संग्रहांत फुलिल्लें आसलें तरी ते प्रतिभेची आंकरी *'आपसुकशीच म्हाका फुट्टा पालय मनाची'* (*हांव*, पा. ६६) म्हणत **अळंगांत** कोमरेल्ली दिसताली. तिका सांसपिले बगर, तिची प्रतिकात्मकताय होलमले बगर, तिगेल्या प्रतिमाविश्वाचें आशया कडलें नातें समजून घेतले बगर ह्या नव्या संग्रहाचेर बरोवप नकली आनी उखलापें थारूंक शकतालें.

अशें सगलेच कविते विशीं जायना (निदान म्हाका तरी). परेशाचे कवितें बाबतींत अशें जावपाचें कारण म्हळ्यार तागेले कवितेची तंत्र-विशयाची विशिश्ट जातकुळी. तांचें मूळ एका नांव नाशिल्ल्या निरंतर सोदांत आसा. हो सोद 'चिरंतनाचो'. हांवांतल्यान सुरू जातासो दिसूनय तो खरेपणान शास्वताचो. श्रीधर कामत बांबोळकाराल्या फिशाल पिशोलान हो पंचमहाभुतांच्या कुसव्यांतल्यान तेजाचे विशाळ रसणाये मेरेनचो प्रवास नेमको टिपला. तागेल्या प्रतिभाशाली आविश्कारान मुखचित्रांतय पिवळ-पाचवे पिकाळ संभावने सावन हलके मातकट-गोबरे आनी गाड निळे-जांभळे दुभावी छटेंतल्यान कवितेंतल्या सोदाचीं उड्डाणां मळब-निळ्या ल्हारांतल्यान थाकायदिण्या उबाळ गुलाबी कोशा मेरेन पावयल्यांत.

**अळंगां**त ह्या सोदाचें उक्तावण अंतर्मनांतले आवय-रुपी चेतनेक सादोवन जाल्लें : *'मनाचो सुप्त उलो म्हज्या/आयकूंक येवं दी फक्कत तुकाच/आनी वाजूं दी पालवांत तुज्या/म्हज्या पावलांचे घुंगूर...'* (*आल्लय*, पा. २३). आतां गर्भखोलांत ताचें स्वरूप आदीम मातृदेवतेक *'अलक्ष दोळ्यांची/तूं पृथ्वी/आदिमाय/ ...पांचव्या मनाची सृश्टी : अदिती...'* (*'आदिमाय'*, पा. १) म्हणू आळोवपी होरावणेचें जाता. पूण हांगा एक ध्यानांत घेवंक जाय : जावं **अळंगां**त वा **गर्भखोलां**त ही आराधना सतत द्वैत-रुपी उरना; तिचो हावेस अद्वैता वटयां आशिल्लो : अळंगांत लेगीत *'तुजीच धर्तर/तुजेंच दिगंत;/म्हज्यांत उदेतात तुजेच रंग'* (*'तळ'*, पा. २२), म्हणपी कवीक 'तादात्म्य' जाय पूण अजून तागेली आध्यात्मिक 'तयारी' जाल्ली नाशिल्ली. ताका *'मर्ण/एकसुरें सत्य/जिणेच्या अंतीम खिणां...'* (*'आयुश्य'*, पा. ७५) अशें दिसून, *'पाळण्यांतलीं प्राक्तनां'* भेकडायतालीं. पूण, आतां **गर्भखोलां**त ताका *'वथांब्याच्या वेंगेंत रुजता गे अनंत/ रुजता गे/रुजता गे'* (*'अनंत'*, पा. २८) ही आश्वस्त करपी जाणवीक भेटल्या; आनी म्हूण, *'तुगेलें म्हगेलें/भितल्ले भितर/ वचूं झड्डून हांवपण/मनाभितर किल्लून येवं/संचित कशें नवेंपण...'* (*'मातयेचें फूल'*, पा. ३९) अशी उत्स्फुर्त प्रार्थना ताच्या काळजांत सावन भायर फुटल्या.

मात, परेशालो हो ध्यास एकमेव वा आथवो न्हय; हेरांनीय कोंकणी कवितेंत हे आर्दी असो ध्यास घेतला; तांणीय आधिभौतिकाचो सोद आपापले तरेन घेतला; पूण तांचे कवितेंत इतल्या उकतेपणान - आनी पिरायेच्या इतल्या सुर्वेच्या पेण्यार - 'हंय' सांडून 'थंय' चो असो ध्यास घेतिल्लो दिसना. विशेश म्हळ्यार, हो कवी जिविता सावन 'विन्मुख जाल्लो' न्हय; विरक्तीन वा वितरागान जिणे वटयां फाट परतिल्लो पोक्त तपस्वी न्हय. तो तर जिणेक आपुलकायेन अनुभवाचें भौरंगी इंद्रधनुष्य कशें पांगुरपी जीवनोन्मुख कृष्ण. आपणाले कवितारुपी राधिकेक *'तूं यो पंचमहाभुतांक घेवन बांसरेचे धुनेवरी'* अशें आमंत्रण दिवपी मुरलीधर. तो फकत रुमानी अभिव्यक्ती खातीर अणभव - आभासाक शिरंगारून उतरांचो स्वच्छंदी राग आळायना. जाल्यार तिजिल्ल्या अवलिया भशेन गूढाचे तानेन सताचे गहन समेर येवंक पळेता : *'अनर्थांतल्यान रुजून/येता अर्थ;/ मळब ओली वेंग घालतना... फळांत बी; आनी/ बियेंत फळ/ हातूंत झाडाचें प्राक्तन आसता.'* (*'अर्थ'*, पा. ९).

तागेलें ध्येय जाणिवे मेरेन पावचेलें पूण तो बालिश, निरागस नेणिवेचे सावळेंत रमता. खरेपणान सुखावता. ताचे खातीर, सानुल्या भुरग्यान *'भिरकटायिल्ले/गिचमिड ओळींचे खांदयांनी'* लेगीत *'पालेता नेणिवेची तरलता'* (*'तरल'*, पा. ७९). निष्पाप बाल-प्रतिभा ताका भावता; तांतुंतलो अर्थ ताका पुरायेन भेट्टा. तो स्पश्टच मानून घेता : आपले कडेन आपले नेणटे चलयेन पितारिल्ल्या चित्रांतल्या धाकटुल्या भुरग्याचे पसून निरागस *'...दोळे उलयतात... आनी सांगिनासतना सगळें कळत वता म्हाका'* (*'घराचें चित्र'*, पा. १०६) ताका हावेस आसा अनाकळाचो. आधिभौतिकाचो; विश्वाकच वेंगावपी. पूण ताचें मूळ अश्या ल्हान-ल्हान मानवी आनी शारीर अणभवांनी आसा. तागेली मोगिका आनी कविता दोन न्हय; त्यो एकेच आस्थेच्यो दोन स्थिती. देखून कवीक खबर आसा, *'हांव अमर्त्य/तुज्या काळजांत;/म्हणजेच कवितेंत ...हांव अमर्त्य/काळीज कंवळ्या/ कवितेच्या आशयांत...'* (*'अमर्त्य'*, पा. ७३) हेच श्रद्धेन तो मोगिकेच्या रूपकांत कवितेक म्हणूंक शकता, *'म्हज्या मनाच्या मागार/तूं येता;/झाड जावन... सळसळून, उचंबळून रंद्रांरंद्रांत पेट्टून ...लुसलुशें-लुवलुवें/आनी म्हजेंय जाता झाड... तुज्या पांचव्याचार सांगातान,/सैमसंभोगांत/रुतूबंधांत'* (*'तूं येता, झाड जावन'*, पा. ९२-३).

मोगी-मोगिका वा कवी-कवितेचो हो एकचार, हें नातें भौतिक अणु-रेणुंच्या तरल धाग्यांनी घुस्पलां. कवी सुंदराचो आनी सर्जनाचो उपासक. पूण आराध्यांत लीन जावचे खातीर तो आराधनेक विसरना. ताका सर्जनाचे प्रक्रियेचो तर मुजरत सोद घेवंक आवडटा. न्हय, ती तागेली एक प्राथमिकताय, एक आंतरीक गरज, हें कविता वाचतना पदोपदीं जाणवता. हे नदरेन *'भूंय'*, *'आडफागुरानीं'*, *'झाड'* आनी विशेश करून *'सृजन-सुवांरीं'* ह्यो **गर्भखोलां**तल्यो कविता भोव लक्षणीय आसात. *'सृजन-सुवांरीं'*त तर कवी रंग-गंध-स्पर्श-दृश्य-श्रोत्र ह्या शारीर अनुभूतीच्या पंचांगांक होरायताच पूण ते फुडें वचून कवीचे मानसभुयेंतल्या *'एकटुक्या ध्यासाक'*य अचळय उतरांनी बांदून म्हणटा, *'हो ध्यासः/न्हय वांजुटो/न्हय पडींग/न्हय उखलापो/ तो सर्जनशील/पिकाळ/गर्भखोल.'* (पा. २३). मात, ही सर्जनाची वाट ताका नवी न्हय. ती तो **अळंगां**तय राखतालो. पूण तेन्ना ताका निर्मणे वांगडचें विनाशाचें अतूट नातें खुणायतालें. जीवन-मर्णाची चक्राकार गती ताका सर्जनाची स्फूर्त दिताली जावंक जाय; कित्याक तर तो थंय म्हणटालो, *'हांगा/मंद हालता पाळणें/थंय/तंवकत चल्ल्या तिरडी.../हांगा/संचिताचें बिंब चेऱ्यार जागें/थंय/प्राक्तनाचो हारसो फुटला...'* (*'अव्यक्त'*, पा. ४४).

तागेल्या पूर्वसुरींमदींय कांय कवी अशेच स्वछंदी नदरेन

द्वैत-अद्वैताच्या झोंपाळ्यार धोलतात. पूण हाचो अर्थ ती कविता परेशाले कवितेक सर्वार्थान लागीं आसा अशें म्हणप धिटायेचें जातलें. कारण, तांचे मदीं अभावानच हे कवितेंतल्या सगल्या गजालींचो एकसणीं संगम जाल्लो आसा. देखून तांचे मदलो फरक आनी समानताय उकतायले बगर फुडें वचप परेशाचे कवितेक समजूंक आदारदिणें थारचेंना. परेशाले कवितेची मळवाट बयाभावाले भावकेंद्री कवितेची वळख सांगत, बाकीबाबाले भावोत्कट, सुगम, गेय कवितेचो आपछंदी पोड उश्णो घेत, भांगीले गंभीर शाश्वता वटेन ओडपी चिंतनशील प्रवृत्ती कडेन सोयरीक जोडीत, रामाणींले गूढ-गहन आध्यात्मिक वयवाटेर थारत, बद्द रमेश वेळुस्काराले आत्म-मग्न चक्रावपी कविते कडल्यान लय-तालाचें भान उखलून थेट माधव बोरकाराले मिताक्षरी, 'चित्रंगी' प्रतिमाविश्वा कडेन येवन जोडटा. पूण परेशा कडेन बयाभावालें सरळसोट, स्पश्ट सांगणें ना; भावनिश्ठा आसा; बाकीबाबाली रंग-गंधाची भरघोस उधळण नासली तरी तागेली हातमेकळी अभिव्यक्ती आनी सैम-प्रिती आसा; भांगी-रामाणील्या प्रतिमाविश्वाची सारकाय आसा, अजून तितली खोलाय ना; तांचे वरी ऐहिकाची किंचितय उपेक्षा ना, पूण तांचे सारकीच पलतडची ओड आसा; वेळुस्काराली उत्स्फूर्त गेयता वा बोरकाराली सहज-सुगमता कमी आसा पूण तांचे वरीच सुक्षिमांतल्यान विराटा वटयां वचचेली आंतरीक ओड आसा. जिणेक अंतर्बाह्य वेंगवपी तांक आसा; प्रत्यक्ष अणभवाक सृजनांत कडयतना भेट्टल्या पेण्यांची जाणीव आसा. पूण 'हांवा'पेल्यान वचून समाजीक यथार्थाक प्रतिकां भायर सरून भिडपाची प्रेरणा अजून जावंक ना.

दरेके कवितेंतल्यान फुटपी सृजनाच्यो, चैतन्याच्यो, उमाळ्याच्यो झरी म्हळ्यार परेशाले कवितेचें खाशेलपण. ह्या खुमांचें सोबीत आनी नेमकें उकतावण तागेल्या 'ह्यो ओल्यो कुरवो', 'ती', 'भूंय' अश्या जायत्या कवितांनी दिसता. देखीक, कवी म्हणटा, *'रावंक जाय सळसळत, आवर्तनां घेत/वारो जावन दिकादिकांत./व्हावंक जाय उदक जावन भळभळत/ दोळ्यांतल्यान... रगतांतल्यान...हुमेंतल्यान...'* ('भूंय' पा. २); वा *'अनंताच्या फुलाइतल्या मनाच्या शुभ्रावस्थेंत/हालयतना पाळणें;/पाळण्यांत न्हिदेक पिकिल्लें भुरगें/जाल्लें दिसता/तळये कांठावयलें चात्रें...'* ('मनाच्या शुभ्रावस्थेंत...' पा. ५१). कांय कडेन कवी कुवाड्यांनी उलयता. देखीक, *'ती'* (पा. १५-१६) समर्पणाक आसुशिल्ली अभिसारिका काय अभिव्यक्तीक आशेल्ली संवेदनशिलताय, हें एक म्होंवाळ हुमाणें. अशीच, 'झाड', 'चित्र', 'दंश', 'अनंत' ह्या कवितांनीय कवीले सर्जनशिलतायेची रूमानी तंवक ठळकपणान जाणवता. 'आडफागुरांनी...' हे कवितेंत तर ती जुस्त होलमता : *'निळनिळशे/मळबाचे फाटभुंयेर/पिंतारता/ एक झाड/आपणाकूच;/मनाक फुटिल्ल्या खांदयांच्या/ आडफागुरांनी...'* (पा. १०). चैतन्य, स्थित्यंतर, विविधताय आनी सैमा वांगडा एकरूप जावपाची आस - हे सगले स्वच्छंदी गूण परेशाली कविता केळयता. पूण आदीं म्हळां तशें, समाजाभिमुखताय दाखोवंक ती उणी पडल्या.

हाचो अर्थ, कवीक सरभोंवतणची जाणवीक ना वो ताका समाजीक घडणुकांचो हुस्को-पात्सो ना अशें म्हणूं नज. कारण एक-दोन कवितांनी ताणें प्रपंचीक आव्हानांचीय उस्तवारी केल्ली दिसता : *'तूं राख कुळाची व्हडवीक/चल प्रवाहावांगडा व्हांवन;/ हांव प्रवाहाआड पेंवन...'*, मात ही समाजीक दाब-दबावांची जाण आनी व्यक्तिगत प्रतिकाराचो निर्धार निमाणें संवेदनेच्या थरार येवन थारता आनी कवी म्हणटा, *'पूण काळजाच्या पांजऱ्यांत विसर जग/आनी थांबय तुजो-/यत्न; दोळ्यांक समजावपाचो/-एक दूक दोळ्यांतल्यान फातर-गुण्या वरी निखळटा;/मनाचें आंगण हालता'* ('मुळावण', पा. २९). ही सहानुभुती मनाक भावनय हांगा वाचप्याच्या वाडिल्ल्या अपेक्षांचो भंग जाता. परेशाले चडावत कवितेंत समाजीक संदर्भांचो विलो असोच सहानुभूतीच्या हुमऱ्यार लायिल्लो दिसून येता. संवेदनशिलताय ही तागेले अभिव्यक्तीची व्यक्तिगत प्राथमिकताय, म्हूण मानलें तरीकूय जर सदांच ती अशीच भावनीक थरार उकती जावनय समाजीक संदर्भांत 'अव्यक्त' उरली जाल्यार तागेले कवितेचें तें एक उणें थारुंये; कारण ताका व्यक्तिगत-समाजीक प्रस्न सादयतात; पूण तांची सभावीक जाप अंर्तमनांत सोदप, तांकां सदांच स्व-संवेदी नदरेन हाताळप म्हळ्यार समाजीक बांदिलकी न्हयकारप. ज्या कवींक अशे प्रस्न खुंदळायनात तांचेर शीण नासता; पूण परेशाचे बाबतींत अशें जावंनये.

पूण ही अपेक्षा दवरनूय, **गर्भखोल** कविता म्हूण सरस आसा हातूंत दुबाव ना; परेशा इतली 'काव्या'ची जाण तागेले पिळगेच्या कितल्या कवींक आसा हो एक विचार करपा सारको प्रस्न! विशेश म्हळ्यार, काव्याच्या आंगांची बारकायेन कवितेंतच सुजाण आनी काव्यात्म चिकित्सा करप हें तागेले प्रगल्भ प्रतिभेचें खाशेलपण. तें हेरां कडेन इतल्या प्रभावीपणान मेळूंक कठीण. ताका एक साधना जाय; परेशा कडेन ती आसा हाची गवाय तागेली कविता पाना-पानार दिता. *'ती'*, *'उतरांनी'*, *'चित्र'*, *'तुडुंब'* सारक्यो कविता हे नदरेन भोव सक्षम तश्योच लक्षणीय. पूण तितल्यान जायना; ते प्रतिभेक विश्व-वेंगावपी घोण जावनय भौतिकाच्या घोंटेराचेर चित्त दवरचेली 'तपश्चर्या' करचीच पडटली. घडये खुद्द कवीक ही जाणवीक आसुंये कारण ताणें **अळंगां**तच म्हणून दवरलां, *'दिगंत आनी धर्तर/ जशें मन-अंतर्मन/गांठी -मुठींत येना दोगांयचो तळ...'*, (*'तळ'*, पा. २२). तें कितेंय आसलें तरी, ताणें फुडाराक बायरन शेले-वर्डस्वर्थ आनी बाकीबाबा कडल्यान प्रेरणा घेवन नवी वाट माडोवची. निदान, आपणाले कविते खातीर तरी! ते बगर तिका गती लाभची ना आनी ती ल्हवुल्हवू आधिभौतिकाच्याच व्यासांत आवर्तनां करीत दुर्बोधाचे गर्तेंत घुस्पुंये. ही ते कवितेच्या सुपीक संभावनांक दिल्ली दिलखुलास चत्राय... कवीचे भावी प्रतिभेक घाल्ली कुन्नाटी भेकडावणी न्हय...!